Aakashvani Panaji National Bulletin 8.40 am 13th December 2025

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा सावन जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन राश्ट्रांच्या भेतीर आसतले . काल सांजवेळा नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश वेव्हार मंत्रालयांतली सचीव नीना मल्होत्रा हांणी, अब्दुल्ला बिन अल हुसेनाच्या आमंत्रणा प्रमाण प्रधानमंत्री ह्या म्हयन्याच्या 15 ते 16 मेरेन जॉर्डनाक भेट दितले अशे सांगलें .

Unea 42

रानवटी उज्याच्या जागतीक वेवस्थापनाक बळगें दिवपा विशीं भारताचो थाराव” काल केनियाच्या नायरोबींत जाल्ल्या संयुक्त राष्ट्रांच्या पर्यावरण सभेच्या सातव्या अधिवेशनांत आपणायलो.भारतान मांडल्ल्या ह्या थारावाक वांगडी राज्यांचो व्हड आदार मेळ्ळो, संवसारभर रानवटी उज्याच्या वाडट्या धोक्याक तोंड दिवपाची तातडीची गरज संवसारीक पांवड्यार मान्य केल्या.

राष्ट्रपती 167

द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज मणिपूरच्या सेनापती जिल्ह्यांत भेट दिवन स वेगवेल्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. तशेंच जिल्ह्या खातीर आनीक पांच उदरगत प्रकल्पांचोय बुन्यादी फातर घालो. तातुत चलयो आनी चले वसतीघर, पुलीस आनी भौशीक सुरक्षीतताय, भलायकी, समाज आनी आदिवासी, शिक्षण आनी हेर वेगवेगळ्या मालावेल्या प्रकल्पचो आस्पाव आसा .तशेंच ताणी खासा असुरक्षित आदिवासी गट (पीव्हीटीजी) वर्गांतल्या मणिपूरांतली एकमेव जमाती आशिल्ल्या मरम जमातीच्या फुडाऱ्याकयची भेट घेतली आनी ताचे वांगडा संवाद सादलो.‘पीएम जनमन’ च्या काळांत आदिवासी समाजाच्या उदरगती खातीर, खास करून पीव्हीटीजींच्या उदरगती खातीर जायते उपक्रम सुरू केल्यात, जाका लागून पीव्हीटीजींचें जिवीत आनीक

सुदारतले अशें अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी मेळाव्याक संबोधीत करताना सांगले . मणिपूरच्या आदिवासींक स्वाभिमान, सुरक्षा आनी उदरगतीच्यो संदी सुनिश्चीत करप आनी देशाचे प्रगतींत तांचो चड वांटो घेवप हें राष्ट्रीय प्राधान्य आसा अशें ताणी मुखार सांगलें.मणिपूराची तांक ताच्या विविधताय, संस्कृताय, भास आनी परंपरेंत आसा. Byte

शिवराज सिंग चौहान 144

केंद्रीय मंत्रीमंडळान 2027 वर्साचे जनगणने खातीर ₹11,718 कोटी अर्थसंकल्प मान्य केलां.2027 वर्साची जनगणना दोन फाटल्या धा वर्सांत देशांतलें पिकाचें उत्पादन 44 टक्क्यांनी वाडलां अशें सरकारान सांगलां.आयज राज्यसभेंत प्रस्न वराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें, 2014 ते 2024 ह्या काळांत नव्या बियाणांचो जाती, आधुनीक तंत्रगिन्यान आनी सुदारीत शेती पद्दतींचो वापर हाका लागून हें शक्य जालां.मोदी सरकार शेतकारांचें उत्पन्न वाडोवपाचेर आनी एकंदर शेतकी उदरगतीक चालना दिवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता अशें श्री चौहान हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजणे खाला शेतकारांच्या खात्यांत एक लाख 90 हजार कोटी रुपया लुकसाण भरपाय जमा केल्या अशे ताणी फुडें सांगलें byte

Pm 125

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी , केंद्रीय मंत्रीमंडळान कोलसेटू धोरणाक मान्यताय दिवप हें भारताची उर्जा सुरक्षा घटमूट करपा खातीर आनी वाड नेटान करपा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशे म्हणला . काल सोशल मिडियाचेर प्रधानमंत्री मोदी हांणी , कोलसेटू धोरणांतल्यान कोळशाचो विनाशिल, कार्यक्षम आनी पारदर्शक वापर करपाक मेळचो म्हूण नवे उपक्रम तयार जातले

अशे पाणी सांगला . ईज ऑफ डूइंग बिझनेसाक आदार मेळटलो, देशांतली उपलब्धताय वाडटली आनी आयात केल्ल्या कोळशाचेर आदारून रावप उणें जातलें अशे ताणी मुखार सांगलें . सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी , 2026 हंगामा खातीर कोपरा खातीर उण्यांत उणें आदार दर वाडोवपाचो मंत्रीमंडळान घेतिल्ल्या निर्णयाक लागून नाल्ल शेतकारांचें उत्पन्न वाडटलेंच पूण कोपरा उत्पादनाक प्रोत्साहन मेळटलें अशे पाणी कळायला . तांणी , देशभरांतल्या शेतकारांचें जिवीत बरें करपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसा अशेंय सांगला .

Parliament 45

2001 वर्सा ह्या दिसा जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या वेळार संसदेची राखण करतना आपलो जीव वगडावपी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक आयज पुराय राष्ट्र श्रद्धांजली दिता. उपराष्ट्रपती आनी राज्यसभा अध्यक्ष सीपी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, केंद्रीय मंत्री, आनी संसदेचे वांगडी संसद घरांत हुतात्म्यांक फुलांची श्रद्धांजली ओपतले

shah 93

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज छत्तीसगडांत जावपी बस्तर ऑलिंपिक सर्तीच्या समारोप सुवाळ्याक हाजीर आसतले . ही कार्यावळ आयज दनपारां बस्तराच्या विभागीय मुख्यालयांतल्या जगदलपूरांत जातली. बास्तार ऑलिंपिकाची ही दुसरी आवृत्ती. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल रातीं रायपूर पावले . सोशल मिडियाचेर एका पोस्टांत तांणी नक्सल हिंसाचारा पासून बस्तार आतां नक्सल मुक्त जावपाचे दिकेन वता अशे ताणी सांगलें . बास्टर ऑलिंपिकांतल्यान ह्या वाठारांतल्या तरणाट्यांच्या प्रतिभेक पोसवण दिवपाक आनी दाखोवपाक एक माची मेळटा अशें तांणी सांगलें. आयज बास्तार ऑलिंपिकाच्या समारोप सुवाळ्या वेळार वाठारांतल्या तरणाट्यां कडेन आनी खेळगड्यां कडेन संवाद सादतले अशें मंत्रीमंडळान सांगलें.

India us 150

विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत, मंत्रालयाच्या उदेंत आशिया विभागाचे संयुक्त सचीव सुजीत घोष हांणी काल बीजिंगांतल्या दोन दिसांची भेट सोंपयली अशे कळयला . घोशान आपल्या भेटी वेळार उपविदेश वेव्हार मंत्री सन व्हायडोंग हाका भेट दिली, आनी चीनी विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या आशियाई वेव्हार खात्याच्या महासंचालका कडेन चर्चा केली. विदेश वेव्हार मंत्रालयान , चर्चा रचनात्मक आशिल्ल्याचे कळायला . दोनूय देशांच्या फुडाऱ्यांच्या रणनिती मार्गदर्शनाचें म्हत्व अधोरेकीत केलें , आनी लोक केंद्रीत संलग्नतायेक प्राधान्य दिवन द्विपक्षीय संबंद स्थीर करप आनी प्रगतीचें सकारात्मक मुल्यांकन केलें. फुडल्या वर्सा नियोजीत आशिल्ल्या कार्यावळींचो दोनूय वटांनी नियाळ घेतलो. निर्यात नियंत्रणा संबंदीत उरिल्ले प्रस्न बेगीन सोडोवपाची गरज आसा हाचेर भारतीय वटेन भर दिलो. परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या प्रादेशिक आनी संवसारीक घडामोडींचेरूय नदर मारली . ह्या भेटी वेळार संयुक्त सचीव (उदेंत आशिया) चीनाच्या वाणिज्य मंत्रालयाच्या महासंचालका कडेनय बसका घेतली, आनी द्विपक्षीय वेपार आनी वेपारी प्रस्नांचेर चर्चा केली.

Sir 143

आठ मुखेल राज्यांतल्या वेंचणूक नोंदींच्या खाशेल्या सघन सुदारणा (एसआयआर)ाचेर देखरेख दवरपा खातीर वेंचणूक आयोगान खाशेले रोल निरिक्षक (एसआरओ) नेमल्यात. अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, उत्तर प्रदेश, गुजरात, केरळ, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड आनी राजस्थान ह्या निरिक्षकांची नेमणूक केल्या. मतदान मंडळान , निरिक्षकांनी आपलें काम सुरू केलां आनी फेब्रुवारी 2026 वर्सा निमाणी वेंचणुकेची वळेरी उजवाडावचे मेरेन दर सप्तकांत दोन दीस ह्या राज्यांनी हाजीर रावपाची अपेक्षा आसा अशे कळयला

Communication 132

टपाल कर्मचाऱ्यांक म्युच्युअल फंड वितरक म्हूण प्रशिक्षण आनी प्रमाणीकरण दिवपा खातीर संचारण मंत्रालय आनी मुंबय स्टॉक एक्सचेंज (बीएसई) हांणी काल नवी दिल्लींत समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी केली. वेंचून काडिल्ले टपाल कामगार गुंतवणूकदारांक सेवा दितले आनी प्लॅटफॉर्मांतल्यान म्युच्युअल फंड वेव्हाराक सुविधा दितले. अर्थीक समावेश घटमूट करपा खातीर आनी देशभरांत गुंतवणूक उत्पादनांचो वापर वाडोवपा खातीर एक मुखेल पावल म्हूण मंत्रालयान ताची तोखणाय केली. ग्रामीण, अर्द शारी आनी उण्या सेवा दिवपी वाठारांनी अर्थीक कार्यावळी खातीर उत्प्रेरक म्हणून इंडिया पोस्टाच्या व्हड टपाल जाळयेचो फायदो ह्या उपक्रमांतल्यान जाता अशें  म्हणलां.

Us 87

अमेरिकेच्या प्रतिनिधी सभाघरांतल्या तीन वांगड्यांनी राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी केल्ली राष्ट्रीय आणीबाणी घोशणा रद्द करपाचो थाराव मांडला, जातूंत भारतांतल्यान आयात केल्ल्या वस्तूंचेर, 50 टक्क्यां मेरेन शुल्क लागू करपाक मेळटालें. ह्या थारावांत हे उपाय बेकायदेशीर आनी अमेरिकन कामगार, गिरायक आनी द्विपक्षीय संबंदांक हानीकारक अशें म्हणलां.  अमेरिके-भारत संबंदांक लुकसाण करतात आनी अमेरिकन गिरायकांक खर्च वाडयतात अशें कायदेमंडळांतले वांगडी डेबोरा रॉस, मार्क वीसी आनी राजा कृष्णमूर्ती हांणी सांगलें. ह्या थारावांत 27 ऑगस्टाक भारतीय वस्तूंचेर घाल्ले अतिरिक्त 25 टक्के दुय्यम दर रद्द करपाचो हेतू आसा, जो आदीं 25 टक्के वसूलाचेर आयिल्लो.

Imd 50

भारत हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उत्तर कर्नाटकात खर थंड ल्हारां पाताळपाचो अदमास उक्तायला . आयज छत्तीसगड, तेलंगणा, दक्षिण कर्नाटक आनी ओडिशा हांगा थंड ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा. खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनीय दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा.

Sports 16

आयज चेन्नयांत जावपी स्क्वाश विश्वचषक सर्तींत दुसरे क्रमांकाचे भारत आनी डिफेंडिंग चॅम्पियन इजिप्त हांचे आड खेळटले.